अल्प मुदत फॅशन डिजायनिंग अभ्यासक्रमा खातीर अर्ज मागयतात

ता. १० सप्टेंबर २०१८

भाद्रपद १९,१९४०

पणजी तंत्रविद्या निकेतन समुदायाच्या उदरगती खातीर ३ ते ६ म्हयन्याचे अल्प मुदत अभ्यासक्रम घेवपाचे थारायला. कौशल्य उदरगत आनी उद्योजकताय मंत्रालयान ही येवजण प्रायोजीत केल्या आनी हो अभ्यासक्रम फुकट दितात. उमेदवाराक शिवण कामाचें मुळावें गिन्यान आसप गरजेचें.

हो अभ्यासक्रम २४ सप्टेंबर २०१८ हे दिसा सुरू जातलो. अर्ज आनी चड म्हायती खातीर सरकारी तंत्रविद्या निकेतन पणजी, हांगा समुदाय विभागांत संपर्क करचो. अर्ज स्विकारपाची निमणी ता. २१ सप्टेंबर २०१८ अशी आसा.